**Akashvani Panaji**

**National News**

**8.40 am** **$2^{nd}$ feb 2026**

**Fm 100**

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी **2026-27** चें केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर केलें. खादी,हातमाग आणि हस्तकला घटमूट करपाखातीर महात्मा गांधी ग्राम स्वराज्य उपक्रम सुरु करपाचो प्रस्ताव, मेगा कापड उद्योगांखातीर राष्ट्रीय तंतू येवजणे वांगडा एकवटीत कार्यावळ,तशेंच राष्ट्रीय हातमाग आनी हस्तकला कार्यावळ प्रस्तावित केल्या.

वेंचून काडिल्ल्या निकशांचे आधारित उद्योगांक उर्बा दिवपी फुडाराचे **Champions SME** तयार करपाखातीर १० हजार कोटी रुपयांचो समर्पित **SME** वाड निधी सुरु केलां.

अर्थसंकल्पाक युवाशक्ती आदारीत अशें म्हणत अर्थमंत्र्यांनी गरीबी उणी कारपाच्या आनी देशांतल्या लोकांच्या जीवितांत सुदारणा करपाच्या मळार व्हड प्रमाणांत उदरगतीचेर भर दिलो. ह्या वर्साचो हो अर्थसंकल्प आर्थिक वाडीक गती दिवप, लोकांची क्षमता वाडोवप आनी दरेका कुटुंबाक, सामाजाक, प्रदेशाक आनी मळांक साधना, सुविधा आनी संदी दिवपाच्या तीन कर्तव्यांकडल्यान प्रेरीत असा अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी सांगलें.

**Budget 289**

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी **2026-27** चें केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर केलें, तातूंत उत्पादन, मुळावी बांदावळ आनी रोजगार निर्मिती खातीर गती मेळ्या तेच बरोबर कर आनी कस्टम पद्दत सोपी जाल्यात . संसदेंत सलग धाव्या अर्थसंकल्पांत मंत्री सीतारामनान जागतीक अनिश्चितताये मदीं वाड तिगोवन दवरपा खातीर एक बहुपक्षीय रणनिती मांडली, तातूंत देशी इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी अर्दवायू क्षमता वाडोवप, मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांक जोखीम सोडप, भारताच्या तरणाट्यांक तंत्रगिन्याना खातीर कुशळटाय दिवप, करदात्यांक अनुपालन सोंपें करप हांचो आस्पाव आसा. अर्थसंकल्पान भारतांतल्या उत्पादन मळार खासा भर दिलो. इलॅक्ट्रॉनिक्स घटक तयार करपाचो खर्च व्हड प्रमाणांत वाडून **40** हजार कोटी रुपया

जालो, जाल्यार दुर्मिळ पृथ्वी चुंबक, रसायनीक उद्यानां, आनी भांडवल माल हांचे खातीर नव्या येवजण्यांनी आयात अवलंबन उणें करपाचो यत्न केला, आनी देशी पुरवण साखळी घटमूट करपाचो यत्न केला. शाळा आनी म्हाविद्यालयांतल्या एव्हीजीसी लॅबा वरवीं, एनिमेशन, गेमींग आनी कॉमिक्साक आदार, आनी डिझायन आनी हॉस्पिटॅलिटी खातीर नवी संस्थात्मक क्षमता हांचे वरवीं सामुग्री निर्मिती आनी सृजनशील उद्देगांक चालना मेळटा. पर्यटन संबंदीत कुशळटाय, मार्गदर्शक ते डिजिटल दायज दस्तावेजीकरण, संस्कृताय आनी आशय रोजगार आनी निर्यातांत रुपांतरीत करपाचो स्पश्ट हेतू संकेत दिता. अर्थसंकल्पांत शासन, शेती, शिक्षण आनी कुशळटाय हांचे वांगडा दत्तक घेवपाक चालना दिवन कृत्रीम बुद्धी (एआय) कडेन चालना दिल्या. तातूंत शेतकारांक एआय सक्षम सल्लागार साधनां आनी शिक्षणीक अभ्यासक्रमांत एआय एकठांय करपाचे प्रस्ताव आसपावीत केले. वैयक्तीक वापरा खातीर आशिल्ल्या वस्तूंचेर शुल्क **20** टक्क्यां वयल्यान **10** टक्क्यां मेरेन उणो करून वैयक्तीक आयात सवाय जातली. सतरा कॅन्सर वखदां आनी अतिरिक्त दुर्मिळ दुयेंसांचेर उपचार करपाक कस्टम शुल्कांतल्यान सुट दिली.

**Pm 87**

केंद्रीय अर्थसंकल्प सामान्य मनशाच्या केंद्रीत आसा आनी सुदारणां वरवीं भारताची बुन्याद सशक्त करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. तशेंच प्रधानमंत्र्यांनी ताचें इतिहासीक आनी देशाच्या सुदारणा वाडपाक गती दिवपाक उत्प्रेरक थरला अशें वर्णन केलां. अर्थसंकल्प सादर केल्या उपरांत दिल्ल्या उलोवपांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी , ह्या प्रस्तावांक लागून अर्थवेवस्थेक उर्बा मेळटली, नागरिकांक सशक्त जातली आनी भारताच्या तरणाट्यांक नव्या उंचायेचेर पावपाची संद मेळटली अशे तांणी नमूद केलें . सरकाराच्या सुदारणाक रिफॉर्म एक्सप्रेस अशें म्हणत प्रधानमंत्र्यांनी आयज भारताक ह्या अर्थसंकल्पांतल्यान नवी उर्जा आनी नवी गती मेळटली अशे ताणी म्हणले .

**Murmu 128**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन ओडिशा आनी छत्तीसगडाक स दिसांच्या दौर्यार आसतले. ह्या भेटी वेळार त्यो बालासोर हांगाच्या फकीर मोहन विद्यापिठाच्या दीक्षांत सुवाळ्याक हाजीर रावून ताच्या नव्यान बांदिल्ल्या सभाघराचें उक्तावण करतले. बिरेस्तारा ते भंजबीर सुनराम सोरेन हांच्या पुतळ्याचें अनावरण करतले आनी रायरंगपूरच्या महुलडीहा हांगाच्या

सरकारी चलयांची उच्च माध्यमीक शाळेंत विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादतल्यो . तशेंच सरकारी आयुर्वेद वैजकी म्हाविद्यालय आनी हॉस्पिटल, ओयूएटी कॅम्पस, धनुर्विद्या केंद्र, शार सोबीतकाय आनी निचरो वाडोवप प्रकल्प अशा वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्यादी फातर घालतल्यो  राष्ट्रपतींनी  ह्या म्हयन्याच्या 6 तारखेक सिमलीपालांत आदिवासी समाजांतल्या बायलां आनी तरणाट्यां कडेन संवाद सादतल्यो . तशेंच भुवनेश्वरांत ग्लोबल फायनान्स आनी टेक्नॉलॉजी नेटवर्काच्या सहकार्यान ओडिशा सरकारान आयोजीत केल्ल्या 'ब्लॅक स्वान समिट, इंडिया'चीय ती सोबीतकाय करतल्यो . ह्या म्हयन्याच्या 7 तारखेक राष्ट्रपती छत्तीसगडांतल्या जगदलपूरांत 'बस्तर पांडम 2026' महोत्सवाचें उक्तावण करतल्यो .

**Income**

आयकर कायदो 2025, 1 एप्रील 2026 सावन लागू जातलो. काल लोकसभेंत केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर करतना अर्थमंत्री निर्मला सीतारामण हांणी सांगलें की, आयकराचे सोंपे नेम आनी फॉर्म बेगीन कळयले वतलें, जाका लागून करदात्यांक तांच्या गरजांची वळख करपाक फावो तो वेळ मेळटलो. सामान्य नागरिकांक कसल्याच अडचणी बगर तांचो पाळो दिवंक मेळटालो अशी ह्या फॉर्मांची नवी रचना केल्या. कर रिटर्न भरपाची मुजत सरकारान वाडयल्या अशें तांणी सांगलें. आयटीआर 1 आनी आयटीआर 2 रिटर्न आशिल्ल्या व्यक्तींक 31 जुलय मेरेन रिटर्न दाखल करपाक मेळटा आनी ऑडिट नाशिल्ल्या वेवसायीक प्रकरणां खातीर वा ट्रस्टां खातीर 31 ऑगस्ट मेरेन वेळ दिवपाचो प्रस्ताव आसा. **Byte**

अर्थमंत्रीन फुडें सभाघराक कळयलें की 2026-27 वित्तीय वर्सा एकूण राष्ट्रीय उत्पादनाच्या (जीएनपी) 4.3 टक्के वित्तीय तूट अदमास आसा, जाल्यार चालू अर्थीक वर्सा 4.4 टक्के आसा. लाभांश उत्पन्नाच्या संदर्भांत वा म्युच्युअल फंडाच्या युनिटां वयल्यान मेळपी येणावळीच्या संदर्भांत कसलीच कपात करपाक मेळची ना आनी अशी कपात करपाक परवानगी दिवपी सद्याची तरतूदय थारावीक मर्यादेक आदारीत काडून उडयतले अशें अर्थ मंत्र्यान जाहीर केलें.

**Jk 56**

जम्मू-काश्मीरांत आयज विधानसभेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाची सुरवात उपराज्यपाल मनोज सिन्हा हांच्या सभाघरांतल्या मार्गदर्शन  जातली. तांच्या मार्गदर्शना खाला . उपकाराच्या प्रस्तावा विशीं चर्चा 3, 4, आनी 5 फेब्रुवारीक जातली, ती 5

फेब्रुवारीक मुख्यमंत्र्याच्या जापेन सोंपतली. **2026-27** वर्साचें जम्मू-कश्मीर संघराज्याचें अर्थसंकल्प मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला **6** फेब्रुवारीक सादर करतले.

**Imd 86**

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, पंजाब, चंडीगढ, ओडिशा, हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला . फाल्यां मेरेन अस्तंत उत्तर प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित-बाल्तिस्तान आनी मुझफ्फराबादात गडगड, वीज आनी वादळी वारें येवपाचो अदमास हवामान एजन्सी उक्तायला .

**Sports 24**

आयसीसी दादल्यांच्या **19** वर्सां पिराये सकयल्या क्रिकेट एकादिसाच्या विषवकरंड सर्तींत काल झिंबाब्वेच्या बुलावायो हांगाच्या क्वीन्स स्पोर्ट्स क्लबांत भारतान प्रतिस्पर्धी पाकिस्तान पंगडाक अठ्ठावन्नन धांवड्यांनी हारयलो.